National Bulletin

२४.१२.२०२५ @ ८.४०

समृद्ध भारत' तयार करपा खातीर 'सुरक्षीत भारत' आसप गरजेचें अशे राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हणलां

भारतीय अंतराळ संशोधन संस्था (इस्रो), न्यूस्पेस इंडिया लिमिटेड वरवीं आयज सकाळीं 8:54 वरांचेर ब्लू बर्ड ब्लॉक-2 संचार उपग्रह एलव्हीएम3-एम6 मिशनाचेर प्रक्षेपण करतली.

भारतीय तटरक्षक दलान गोवा शिपयार्ड लिमिटेडत  पयले प्रदूषण नियंत्रण जहाज, 'समुद्र प्रताप', सेवेत दाखल केला

बायलांच्या क्रिकेटांत  पांच मॅचींच्या मालिकेच्या दुसऱ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान श्रीलंकेक सात विकेटींनी हारयले

PRE 80

अर्थीक गुंतवणूक आनी वाड करपाच्या मुखेल चालकां मदीं सुरक्षा ही एक अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हणलां. 'समृद्ध भारत' तयार करपा खातीर 'सुरक्षीत भारत' आसप गरजेचें अशें तिणें सांगलें. नवी दिल्लींत 38वें गुप्तचर ब्युरोचें परिषदेत व्याख्यान दितना राष्ट्रपतीनि सांगलें,कि  भारताक बहुआयामी सुरक्षा आव्हानां आनी धोक्यांक तोंड दिवचें पडलां. शिमेवयल्या वाठारांनी तणाव, आतंकवाद आनी उग्रवाद, बंड आनी कट्टरपंथीपण हे सुरक्षा चिंतेचे पारंपारीक वाठार आसात अशें तिणें सांगलें.फाटल्या वर्सांनी सायबर गुन्यांव सुरक्षा खातीर व्हड प्रमाणांत धोको निर्माण जाल्यात अशें राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें.

ISRO 100

भारतीय अंतराळ संशोधन संस्था (इस्रो), न्यूस्पेस इंडिया लिमिटेड वरवीं आयज सकाळीं 8:54 वरांचेर ब्लू बर्ड ब्लॉक-2 संचार उपग्रह एलव्हीएम3-एम6 मिशनाचेर प्रक्षेपण करतली. श्रीहरिकोटा हांगाच्या सतीश धवन अंतरिक्ष केंद्राच्या दुसऱ्या प्रक्षेपण पॅडा वयल्यान हे प्रक्षेपण करतले. ह्या मिशनांत भारताचें सगळ्यांत बळिश्ट प्रक्षेपण यान एलव्हीएम3 वापरतले. हाका लागून विश्वसनीय आणि किफायतशीर वेपारी अंतरिक्ष प्रक्षेपण करपाचे नदरेन भारताचो कामगिरी अधिक मजबूत जातली .ब्लू बर्ड ब्लॉक-2 उपग्रह अमेरिकेच्या एएसटी स्पेसमोबायल कंपनीन तयार केला.

अवकाशाल्यान थेट मोबायल ब्रॉडबँड जोडणी मेळोवपा खातीर हो उपग्रह तयार केल्लो आसा. ह्या उपग्रहाचो हेतू सामान्य स्मार्टफोनाचेर 4जी आनी 5जी सेवांक आदार दिवप  आसा. दुर्गम आणि सेवांपासून वंचित वाठारांनी हो उपग्रह खासा उपेगी पडटलो.

राजनाथ 60

संरक्षण संशोधन आनी विकास संघटना  (डीआरडीओ)न  नेक्स्ट जनरेशन आकाश क्षेपणास्त्र प्रणालीच्या वापरकर्ता मूल्यांकन चाचण्या यशस्वीरित्या पुराय केल्या. संरक्षण मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां की, चांचण्यां वेळार ह्या क्षेपणास्त्रांनी वेगवेगळी  श्रेणी उण्या उंचायेचेर आनी लांब अंतराचेर, तशेच चड उंचायेचे परिस्थिती सयत वेगवेगळ्या हवाई लक्ष्यांचेर येसस्वीपणान भेदले,संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हानी  डीआरडीओ, भारतीय वायुसेना आनी उद्देगाक वापरकर्ता मूल्यांकन चाचण्या यशस्वीरित्या पुराय केल्ल्या खातीर परबीं दिल्यांत.

कोस्ट 50

भारतीय तटरक्षक दलान गोवा शिपयार्ड लिमिटेडत  पयले प्रदूषण नियंत्रण जहाज, 'समुद्र प्रताप', सेवेत दाखल केला . काल एका समारंभात हे जहाज  औपचारिकपणन तटरक्षक दलाकडे सुपूर्द केले . हे जहाज  अत्याधुनिक तंत्रज्ञानान सुसज्ज आसा  ज्यातून  ३० मिलिमीटरची सीआरएन-९१ तोफ, एकात्मिक फायर कंट्रोल सिस्टीमसयत  दोन १२.७ मिलिमीटरच्या स्थिर रिमोट-नियंत्रित तोफा आणि स्वदेशी बनावटीच्या प्रणालींचा समावेश आसा

शाह 45

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज पंचकुलाक भेट दितले आनी सहकारी क्षेत्रा विशीं परिशद आनी हरियाणा पुलिसांच्या दीक्षांतीकरणा सयत वेगवेगळ्या अधिकृत कार्यावळींक वांटो घेतले. तशेंच आदले प्रधानमंत्री अटल बिहारी वाजपेयी हांच्या पुतळ्याचें अनावरण करतले. वीर बाल दिवसाच्या निमतान हरियाणा सरकाराच्या राज्य पांवड्यावेल्या कार्यावळींत शाहा वांटो घेवन ही भेट सोंपयतले .

FARMERS DAY   70

काल  देशभरांत राष्ट्रीय शेतकार दीस मनयलो . राष्ट्राची वाड आनी उदरगती खातीर शेतकारांच्या योगदानाचो हो दीस म्हण मान दितात.ग्रामीण प्रस्नांची खोलायेन समजूत आनी शेतकारांच्या कल्याणा खातीर काम करपाक  नामना मेळिल्ल्या आदले प्रधानमंत्री चौधरी चरण सिंगाची जल्मदीस हो दीस. देशांतल्या शेतकारांच्या समर्पणाक मान दिवपा खातीर आनी राष्ट्राची प्रगती घडोवपाक तांची म्हत्वाची भुमिका वळखून घेवपा खातीर हो दीस मनयतात.संघाचे  कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी चौधरी चरण सिंगाच्या वाडदिसाच्या वर्धापन दिसा तांकां आर्गा ओपली.

खेळां मंत्रालय 60

केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान तरणाटे प्रतिभेक पोसवण दिवपा खातीर आनी देशांतली खेळां पर्यावरण प्रणाली घटमूट करपा खातीर एक बरी संघटीत, व्हड प्रमाणांतली माची  तयार करपाच्या हेतान एक व्यापक इंटर्नशिप धोरण सुरू केलां. ह्या उपक्रमाक लागून मंत्रालयांतल्या म्हाविद्यालय आनी विद्यापिठाच्या विद्यार्थ्यांक आनी ताच्या स्वायत्त संस्थांनी अर्थपूर्ण इंटर्नशिप संद मेळटली, जाका लागून तांकां खेळां प्रशासन, वेवस्थापन आनी संबंदीत वेवसायीक मळार हाताळणी अणभव मेळटलो अशें मंत्रालयान सांगलें.

JAISHANKAR 65

श्रीलंकेंत दितवा चक्रीवादळाचो परिणाम जाल्ल्या वाठारांचो पुनर्बांदणी करपाक मजत करपा खातीर भारत 45 कोटी डॉलराचे पॅकेज दितलो. परराश्ट्र मंत्री जयशंकर हांणी आयज कोलंबोंत प्रसार माध्यमांक संबोधीत करतना ही म्हायती दिलीताणें सांगलें की ह्या पॅकेजींत 35 कोटी सवलतीची पतपुरवण आनी 10 कोटी डॉलर अनुदान आसपावीत आसा, जाचो हेतू राष्ट्रांतल्या चक्रीवादळान पिडिल्ल्या प्रदेशांची पुनर्बांदणी करपाक आदार दिवपाचो आसा.भारताच्या मजतींत ह्या चक्रीवादळाक लागून सगळ्यांत चड परिणाम जाल्ल्या क्षेत्रांचो आस्पाव जातलो.BYTE

G ram 60

रोजगार निर्मिती खातीर आनी व्यापक ग्रामीण उदरगती खातीर फावो तो निधी मेळचो हे खातीर विकसीत भारत: जी रॅम जी येवजणे खाला एक लाख एकवन हजार कोटी रुपयां परस चड वाटप प्रस्तावीत केला अशें केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. आतां कामगारांक शंबर दिसांच्या बदलाक 125 दिसांची नोकरी करपाची कायदेशीर हमी दिल्या अशें मंत्री हांणी व्हिडियो संदेशांत सांगलां.

कोळसो 70

कोळसो मंत्रालयान व्यावसायिक कोळसो खाणींच्या लिलावाच्या १४ व्या फेरीखातीर बोली उघडल्या, जातुन उद्योगातल्या भागधारकांचो उत्साहवर्धक सहभाग दिसून आयलो. कोळ सो मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला की या फेर येत ऑफर केल्या ४१ ब्लॉकपैकी २४ कोळ सो खाणीं खातीर बोली प्राप्त जाल्यो. बोली डिक्रिप्ट केल्यो  आणि बोलीदारांच्या उपस्थितीत इलेक्ट्रॉनिक पद्धतीन उघड ल्यो ऑफलाइन बोली कागदपत्रा आशिले सीलबंद लिफाफेय बोलीदारांच्या उपस्थितीत उघडले. संपूर्ण प्रक्रिया बोलीदारांखातीर स्क्रीन चेर थेट प्रदर्शित केली, जाका लागुन संपूर्ण पारदर्शकता सुनिश्चित झाली.

जोशी 90

केंद्रीय गिरायक व्यवहार, अन्न आणि भौशिक वितरण आणि नवीन आणि नवीकरणीय ऊर्जा मंत्री प्रल्हाद यांनी  संसद भवनात उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णनची भेट घेतली. एका सोशल मीडिया

पोस्टत उपराष्ट्रपतीनी म्हणले की, त्याका अन्न आणि भौशिक वितरण विभागाची सुधारणा, पारदर्शकता वाडोवपाक आणि अन्न सुरक्षा मजबूत करपाक तंत्रज्ञान-आधारित उपाययोजनांबद्दल माहिती दिली.  राधाकृष्णन यांनी नवीन आणि नवीकरणीय ऊर्जा मंत्रालयाच्या सौर आणि पवन ऊर्जा क्षमतेचो जलद विस्तार, राष्ट्रीय हरित हायड्रोजन अभियानांतर्गत प्रगती आणि नवीकरणीय ऊर्जा लक्ष्यांच्या बेगीन साध्यतेची नोंद घेतली. उपराष्ट्रपतींनी ऊर्जा सुरक्षा, स्वच्छ ऊर्जा संक्रमण आणि २०४७ मेरेन विकसित भारत करपाच्या दिशेन मंत्रालयाच्या योगदानाचे कौतुक केले.

नायडू 100

फाटल्या एका सप्तकात त्यांनी भारतीय आकाशात उड्डाण करू इत्सुक नवीन विमान कंपन्यांच्या टीम वांगडा बसका घेतल्या अशी माहीती नागरी विमान येरादारी मंत्री राममोहन नायडू हाणी दिली. ह्य विमान कंपन्यांमदी शंख एअर, अल हिंद एअर आणि फ्लायएक्सप्रेस  आसपावतात. सोशल मीडिया पोस्टल मंत्र्यांनी मुखार सांगले की ह्या विमान कंपन्यांक मंत्रालयाकडच्यान एनओसी मेळल्या. प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदीच्या धोरणांप्रमाण जगातल्या सगळ्यात वेगान वाढ पी विमान येरादारी च्या बाजारपेठांपैकी एक आशिल्या भारतीय विमान येरादारी क्षेत्रात मंत्रालय अधिक विमान कंपन्यां क प्रोत्साहन दि ता. उडान सारख्या योजनांक लागुन स्टार एअर, इंडिया वन एअर, फ्लाय९१ सारख्या लहान विमान कंपन्यां क देशातल्या प्रादेशिक कनेक्टिव्हिटी नदी महत्वाची भूमिका मेळली आणि मुखार वाढी क अधिक वाव आसा

स्पोर्ट्स 70

बायलांच्या क्रिकेटांत काल रातीं विशाखापत्तनमांत जाल्ल्या पांच मॅचींच्या मालिकेच्या दुसऱ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान श्रीलंकेक सात विकेटींनी हारयले . श्रीलंकेन थारायिल्ल्या 129 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाग  करून भारतान षटकांत हे लक्ष्य गाठले. भारता खातीर शफाली वर्मान 34 चेंडूत नाबाद ६९ धावांची धडाकेबाज खेळी केली.

<><><>

बुध्दिबळांत काल मुंबयंत जाल्ले निमाणे मॅचींत भारतीय ग्रॅण्डमास्टर आर प्रज्ञानंद आनी अनीश गिरीच्या आल्पायन एसजी पायपर्स पगडान  गतविजेत्या त्रिवेणी कॉन्टिनेंटल किंग्स पगडाक हारोवन ग्लोबल चेस लीग 2025 चो तिसरो हंगाम जिखलो.

वेदर 60

भारतिय  हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब आनी उत्तर प्रदेशांतल्या कांय सुवातींनी दाट ते सामके दाट धुकें पडपाचो अदमास काडला. हवामान खात्यान ओडिशा, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी उत्तराखंड तशेंच ईशान्य भारतांतय दाट धुकें पडपाचो अदमास काडला. हिमाचल प्रदेश, जम्मू, काश्मीर, लद्दाख, गिलगीत, बाल्टिस्तान, मुजफ्फरबाद, झारखंड आनी मध्य प्रदेशांत अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा. तशेंच आयएमडीन बिहारांत ‘थंड दिसाची परिस्थिती उर्तली अदमास काडला.